राजश्री कामत      प्रादेशिक खबरो    31.03.2025 @ 7.25 am

गणेश 100

कला, वाणिज्य आनी विज्ञान फांट्यांतल्या आनी हेर पदवी अभ्यासक्रमा खातीरची महाविद्यालयीन प्रवेश प्रक्रिया अंदूंय ऑनलायन पद्दतीन ११ एप्रील ते ३० एप्रील ह्या काळांत जातली अशी म्हायती उच्च शिक्षण संचालक भूषण सावयकार हांणी दिली. बारावेचो निकाल अंदूं बेगीनूच जाल्ल्यान महाविद्यालयीन प्रवेश प्रक्रियाय बेगीनूच सुरू जातली.अर्ज स्विकारले उपरांत पात्रता वळेरी आनी गुणवत्ता वळेरी जाहीर करतले. ते प्रमाण प्रवेश दितले. निकाल जाहीर जरी जालो तरी गुणपत्रिका मेळपा वांगडाच हेर प्रमाणपत्रां घेवपा खातीर विद्यार्थ्यांक जाय तसो वेळ मेळपाक जाय.. तशेंच परत तपासणी, परत मेजणेची प्रक्रीयाय आजून जावपाची आसा. हाका लागून निकाला उपरांतूय कांय विद्यार्थ्यांच्या गुणांनी बदल जावपाची शक्यताय आसा. हे खातीर ११ एप्रील सावन अर्ज स्विकारण्याची तारीख निश्चीत केल्या

रश्मि 45

भारतातल्या सगल्या प्रभावी 100 मनशांमदी गोंयचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांचो आसपाव आसा.प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, काग्रेसीचे फुडारी राहुल  गांधी,केंद्रीय गृह मंत्री अमीत शाहा ,उत्तर प्रदेशाचे मुखेलमंत्री योगी आदीत्यनाथ,उद्देजक गौतम अदानी, बोलीव्हुड अभिनेता अमिताभ बच्चन,शाहरूख खान,तशेंच हेर मळावेल्या मानेस्तांचो ह्या वळेरीत आसपाव आसा.

NSD ईद 130

रमजानच्या पवित्र महिन्याच्या समाप्ति निमित्त आज देशात ईद-उल-फित्र मनयतात. भक्त आज ईदगाह आनी मशिदींत ईद नमाज अदा  करतले. दिल्लींत जामा मशिदी, फतेहपुरी मशिदी आनी शाही ईदगाह हांगा मुखेल ईद मेळावो जातलो. भारतांत ईद उल फितर खातीर चंद्र दर्शन जाले. लखनौ हांगा चंद्र दर्शन जाले आनी  केंद्रीय चंद्रदर्शन समितीचे अध्यक्ष मौलाना खालिद रशीद फिरंगी महाली हाणी  घोषणा केली की ३१ मार्च क  ईद मनयतले

लखनौचे इमाम ईदगाह मौलाना खालिद रशीद फिरंगी म्हाली हांणी सांगलें की, भारताच्या इस्लामी केंद्रान एक सल्लागार जारी केला, तातूंत मुसलमान समाजाक बेगीन बेगीन ईदगाह आनी मशिदींत पावचें आनी रस्त्याचेर नमाज अदा करचो न्हय आनी फकत ईदगा भितर नमाज अदा  करचो  अशें आवाहन केलां. नमाज

अदा केल्या उपरांत तुमच्या देशाचे सुरक्षे खातीर प्रार्थना करात अशेय तातून म्हळा. राष्ट्रपति द्रौपदी मुर्मु उपराष्ट्रपती जगडीप धनकर आनी प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी देश वासीयांक इदाची परबी भेटयल्या

महेश 80

फ्रांसांत जावपी प्रतिश्ठीत टूलूझ इंडियन फिल्म फेस्टिवल (Festival des Cinemas Indians de Toulouse) खातीर 'गुंचा' ह्या लघुपटाची अधिकृतपनान निवड जाल्या. 23 एप्रील ते 27 एप्रील 2025 मेरेन चलपी ह्या महोत्सवांत ताचो संवसारीक प्रीमियर जातलो.'गुंचा' ह्या सिनेमांत गोंयची रावी किशोर आनी मुंबयची गौरी कडू हांची वेगवेगळ्या आर्थिक फाटभूंयेवेली भूमिका आसा. उल्लेख करपासारकें म्हणल्यार हिमांशुचो आदलो कोंकणी लघुपट पीस लिली सँड कॅसल हो टूलूझ इंडियन फिल्म फेस्टिवल 2024 वर्सात दाखयल्लो. ह्या सिनेमांत गोंयचे कलाकार आणि क्रू मेंबर्स आसात. हिमांशू सिंग हाणी आकाशवाणी कडे आपली खोस उक्तायली Byte

रश्मि 60

गोय क्रीकेट संघटने वतीन गोवा प्रीमीयर लीग ( GPL) final in pink ball under floodlight क्रीकेट खेळा सर्त 31 मार्च ते 2 एप्रील ह्या काळात जातली. आज दनपरा 1.30 वराचेर सर्तीची सुरूवात पर्वरे गोवा क्रीकेट संघाच्या मैदानाचेर जातली.ही सर्त you tube वेल्यान कोमेंट्रीसयत क्रीकेट मोग्यांक थेट पळोवपाक मेळटली.

आयपीएल क्रिकेटत राजस्थान रॉयल्सन काल राती गुवाहाटीतल्या बरसापारा क्रिकेट स्टेडियमर चेन्नई सुपर किंग्जक 6 धावंडयानी पराभूत केले.

तापमान 40

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 31 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 27 डिग्री सेल्सिअस आनी हवेतली आर्द्रता 84 % नोंद जाला. राज्यात काय सुवतीनी गड गड मारून हलको पावस पडू येता

मन की बात 130

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आकाशवाणीवेल्या मन की बात कार्यावळींत देश विदेशातल्या लोकाकडे संवाद साधलो. कापड कोयराच्या आव्हानाचेर भर दितना तो पुराय संवसाराक चिंतेचें मुखेल कारण जालां अशें ताणी सांगलें.. काय दिसां आदि सोपील्या खेलो इंडिया पॅरा गेम्सत खेळाडूंनी परत एकदा तांच्या समर्पणान आणि प्रतिभेन संगळ्यांक अजपीत केला आशे म्हणून ताणी भागरा पदक जिंकपी मुष्टियोद्धा जॉबी मॅथ्यूच्या पत्रातलो काय भाग वाचून दाखयलो. पयलेच फावट आयोजित केल्या इंडिया कार्निव्हलात तंदुरुस्त रावप आणि तंदुरुस्ती बद्दल जागरूकता पसरवप अशा या उपक्रमात MY-Bharat तुमका खूप मदत करू शकतलो अशेय ताणी सांगले. उदका संवर्धनाचेर उलयतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी उदक संवर्धन संबंदीत कामांत नवी गती मेळपाक लागल्या हाचेर तांणी समाधान उक्तावन दर वर्सा प्रमाण अंदूय 'कॅच द रेन' मोहिमेची झुजा पांवड्यार तयारी, जाल्या अशें सांगलें. प्रधानमंत्र्यान विद्यार्थ्यांक गिमाळी सुटयेंत छंद सांबाळपाक आनी रचनात्मक कामां करपाक सल्लो दिलो .

आनी इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपलयो आमचयो मुखावेलयो प्रादेशिक खबरो आसतलयो सांजेच्या 7.20 नमस्कार